दर्यासुंदरी

1557
N-DEV
DIL

885
Acc. No.

दिलीप बोरकार

001557
L:B02- R09 (Guv. 5)

दर्यासुंदरी

(बालगितिका)

दिलीप बोरकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
885
Acc. No.

बिम्ब प्रकाशन

पर्वरी – गोंय

दर्यासुंदरी
(बालगितिका)
दिलीप बोरकार

Darya Sundari
(Lyrical Story for Children)
by Dilip Borkar

© दिलीप बोरकार

सुदारीत आवृत्ती
माय २००५

A, DIL·3 c P05

प्रकाशन क्र. ३५

प्रकाशक
कामिनी किणी
बिम्ब प्रकाशन
जी.एस.बी ३
पर्वरी

अक्षर जुळणी
बिम्ब प्रकाशन

1557 / Al → Dev / DIL

छापणावळ
इम्प्रेशन्स
बी-२, 'अक्षर आर्केड'
३३६०/४, गोंधळी गल्ली,
बेळगांव.

दर्शनी चित्र आनी रेखाटनां:
गिरीश नंदा बोरकार

मोल: रु. ४०/-

भुरगेपणार एक जपानी काणी वाचिल्ली. उपरांत ती विसरून गेलों. पूण एक दीस शिरदोणच्या दर्यादेगेर बशिल्लों आसतना ती काणी म्हाका अचकीत याद जाली. म्हजी तंद्री लागली. हांव शिरदोणच्या त्या दर्यांत गेलों. हांवें कासवार बसून उदकांत वचपाचो अणभव घेतलो. हांव दर्यासुंदरीक मेळ्ळों. म्हज्या मनांत हें काव्य स्फुरत रावलें. हांवें हें सगळें अणभवलां हे तरल भावनेंत हांव उल्लों आनी हे दर्या सुंदरीची निर्मिती जाली.

दिलीप बोरकार

श्री गोंय.

जुवारेच्या भांगरा देगेक
जुवारी गांव वसलेलो
ल्हान-व्हड खोपटांनी
खारवी लोक रावतालो

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001557

चुट्टांचेच एके खोपींत
आंतोन खारवी रावतालो
रात-दीस नुस्तें मारून
जिवीत आपलें सारतालो

सदांच तो चिंत्तालो.
कशें कितें करूं?
थकला आतां जीव
दीस कशे सारूं?

फांतोडेर वचचें ताणें
जाळ घेवन परायेर
कश्ट त्रास चुकलेनां
अशक्त जाण्टे पिरायेर

पूत ताका एकसुरो
हेडटालो सगळो गांव
सभावान सामको न्हिदखुरो
शिनू ताचें नांव

काम शिनूक आवडना
शिकप शिनूक लागना
खेळप शिनूक परवडना
हेडूंक शिनू आयकना

असलो हो शिनू
हेड हेड हेडटालो
सदांच ताका समजायत
आंतोन नशिबाक रडटालो

वर्सां म्हाका वीस
अजून भुरगो हांव
राव गा थोडे दीस
पातळायन संवसारार नांव

नांव तुजें नाका
जोड म्हाका जाय
उठ पुता आतां
हालय मातशे पांय

कितलो तेंप पोसचो
म्हाका सायबा गोमोना
सोंपले आतां दीस
म्हुज्यान आतां जोमोना



आतां तूंच देख
नुस्त्याचो धंदो म्हुजो
ओहो जर हेडत
फुडार कितें तुजो?

सकाळ फुडें उठचें
दर्या देगेर वयचें
पागेल मारून दर्यांत
देनपारांक कितेंय हाडचें

आसूं आतां पाय
सांगलां तितलें पुरो
सकाळ फुडें शेवटच्यांचो
हाडटां भरून हारो

लोक म्हाका म्हुण्टा
भोंवता कित्याक गांव!
जाण्टेपणी पायक तुज्या
आदाराक आतां पाव

आतां तूं देखतलो
ह्या शिनूचें काम
घार भांगारान भोत्तां
रकोवन आंगा घाम

काम केन्ना केलेंना
भिरांत सामकी दिसता
दर्यार केन्ना गेलोंना
नुस्तें खूंय आसता?

भिवूं नाका पुता
सगलें तुका सांगतां
मतींत जर आसत
देव ताका पावता

उठचें फात्या पोरारी
घेवंचें पागेल हातांनू
वोयचें दर्या देगेरी
मोखचें दर्यांत नेटानू

गावोना जाल्यार कांय
येवंचें न्हुय घारा
तकालस घेवन जिवाक
हाडचें कितेंय पोरा

उबगण तुका येतेली
गावोना म्हणोन कांय
उदक हातीक लागोना
खणले बगर बांय

सपनां देखीत नुस्त्याचीं
न्हिदलो शिनू रातीचो
सपनांतुल्या मनांत ताच्या
आसलो हावेस दर्याचो

आयली अचकीत जाग
जिळमीळ कोंब्यासादार
काळजाचो करून दर्या
घेतलें पागेल खांदार

हड्ड्यांत एक सोश्याकाळीज
घेवन बाबडो चमकतालो
पावला पावला कणकणीं
शिनू सामको कांचवेतालो

फाटीं येन दिसना
मुखार पांय पडना
फाटीं काय फुडें
कांयच पापयाक उमगना

मनांत मळबा हावेस
मुखार दर्या गाज
झाडां पेडां मजगतीं
शेवण्यां संगीत साज

काळोख सामको बिण्ण्
दीस केन्ना जातलो?
येवजिता थंय आसा
सूर्य धारेर पावलो

कितलो हो रंग
अजापान तो देखी
दोंगरा कुशी सूर्या
गुलाल ताजेर मोखी

नदर माल्ल्यार मुखार
दर्या नेटार हांसतालो
फुलोवन तांबसी आंगार
व्हंकल कसो लजतालो

केदो व्हडलो दर्या
खंयसून तो वोतला!
इतल्या ह्या पाणयांत
नुस्तें कितलें भल्लां!

येदीं व्हडलीं ल्हारां
देगेर कित्या रावना!
दर्यांतलें नुस्तें येवन
धडेर कशें पडना!

माल्ले विणें जाळ
नुस्तें वयर पडचें
काडले विणें कश्ट
बसून दीस सारचे

वोतल्या बगर घाम
ताळयार उंडी पडना
काश्टी सुकी दवरून
थिगूर खावंक मेळना

घेवन पागेल हातांत
रावलो एका खडपार
देवाक मनी होरायत
फेकलें तें पाणयार

हातांतलें फुल्लें पागेल
खिणांभितर जावन कमळ
सप्प करून बसलें
वचून, थरथरायत जळ

पायन ताका सांगलेलें
रावंचो थोडो काळ
अळंग दोरी ओडीत
घेवंचें वयर जाळ

काडलें वयर जाळ
जशी दुदावेली साय
उमळशिकेन चोय जाल्यार
नासलें तातूंत कांय

दर्या उपाट्ट मासोळीन
जाळाक कशें लागना?
माल्ले बगर कांय
घरा वचोंक गावना

सूर्या पावलो माथ्यार
खडप सामकें तापलेलें
दर्या आसून सामकार
जिबेर उदक नासलेलें

मारून मारून पागेल
मनांत सामको निर्शेलो
वोडून वोडून दोर
पोर सामको खर्शेलो

हातांत कांय पडलेंना
दीस लागलो बुडूंक
म्हजेंच नशीब फुटकें
लागलो पोर रडूंक

रितो घेवन हारो
पावलो शिनू घारा
आशेन तेळीत वाट
उबो आंतोन दारा

'कितलो कळाव केलो
हाडलां कितें पुता!
दी वेगीं म्हाका
बाजारांत घेवन वेतां '

'मेळूंकना पाय कांय
काडलो कितलो त्रास
आयलां आतां घरा
सोडून सगळी आस '

'जाणांच आसलों हांव
समकोच तूं रेडो
जायना म्हुज्यान आतां
वोडूंक संवसारा गाडो '

‘रडूं नाका पाय
वेतां सोडून घार
हाडले बगर कांय
हुंपचोंना परतें दार ’

लाबलेंना आयज कांय
पर्वा ताची ना
एका दिसा भितर
इगर्ज कोणे बांदलिना

उठलो शिनू सकाळीं
आंतोन न्हिदे भारारी
घेवन पागेल हातानू
पावलो दर्या किनारी

घेतले बगर मासोळी
देखचोंना पायचें तोंड
मान सकल घालचोंना
वेंगायन हांव फोंड

आसलो आंगात नेट
खंयचो नशिबा सांगात!
सल्लो पुराय दीस
तरीय रितो हात

एक भोपशें ना
निमाणी ही खेप
नासलें जरी कांय
दर्याक जीण ओपप

काडलें अळंग वयर
जाळ ताणें उदकांतलें
एकूच एक सानुलें
भोपशें तातूंत फडफडलें

जीव सामको धादोसलो
चोवन त्या भोपश्याक
कुंयां जरी गावलीना
आंवडेता मनीस निसाक

‘राव रे मातसो पोरा
सांगतां तुका हांव
सोड म्हाका पाणयांत
मारतां घरा धांव

माणकुलें हांव भोपशें
कोणांक म्हूण पावतलें?
सोडीत जर दर्यांत
व्हडलें हांव जातलें

तेन्ना म्हाका आफय
धांवन हांव येतां
व्हड म्हाका जावंदी
तितलेंच हांव मागतां

काळीज तुजें दर्याचें
म्हणून तुका सांगतां
वाचल्यार म्हजो जीव
मागीन तें दितां'

कोण आतां उलयलो
कोणाचीं हीं उतरां?
कितलो मधूर आवाज
शिरशिल्लीं म्हजीं गात्रां

भियेंव नाका कुंवरा
जाळांत हांगा देख
सुटचे आदीं प्राण
उदकांत म्हाका फेक

कोण तूं अजापी
म्हाका मातशें सांग
नुस्तें आनी उलयता!
कांपलें म्हजें आंग

सांगतां तुका सगलें
पयलीं म्हाका सोड
स्वासाची जिवाक म्हज्या
लागल्या आतां वोड

घाबरत भियेत शिनून
काडलें ताका अळंग
सोडलें अचळय दर्यांत
उठले ल्हारा तरंग

व्हड तुजें मन
कितलो तूं बरो
काळजांत व्हांवता तुज्या
मोगाळ म्होंवां झरो

पुरो तुजी तुस्त
कितें हांव करूं?
माल्ले बगर कांय
कसो हांगच्यान झुरूं?

लावन वाटेक दोळे
रावला म्हजो पाय
घरा कसो वचूं
सांग म्हाका बाय

नुस्त्याची कन्या हांव
कितें तुका जाय
सांग म्हाका सगळें
काडून मनां भंय

जायना म्हज्यान देखूंक
निर्शेल्लें तुजें वदन
कसली तुका चिंता
कित्याक हें रूदन

दर्याच्या पोटांत रावता
एक नुस्त्या राजा
हांव ताची धूव
नुस्तें ताची प्रजा

भांगर, माणकां, मोतयां
भल्लां खूप धन
यो म्हज्या सांगाता
खुसलाय तुजें मन

दर्यांत लोक रावता!
कितें सांगता पिशेपणां
गरजे भायर कोण
वेंगायत काय मरणां!

वेतां हांव घरा
नाका तुजें धन
उदकाक चोयत तर
कांचवेता म्हजें मन

मरचेंच आसा म्हाका
जोडूंक तर नजो
एके वाटेन फुफाटो
दुसरे वाटेन उजो

खरेंच सांग सुंदरी
लोक दर्यांत रावता?
उदकांत बुडून लेगीत
जिवे कशे उरता?

मरण जिवीत फकत
मनीस प्राण्याक लागता
उदकांत रावपी नुस्तें
दर्यांत केन्ना मरता?

येवंचें आसल्यार तुका
सांग बेगीन म्हाका
घरा पावंक जाय
कळाव आतां नाका

जीव म्हजो वांचयलो
कितले तुजे उपकार
बाबाक म्हज्या सांगत
घेतलो तुका माथ्यार

भियेवपाची ना गरज
सर असो मुखार
दवरून म्हजेर भरवंसो
बस ह्या कांसवार

आफयलो एक कांसव
खुणा करून सुंदरीन
अचळय वचून फांटीर
बसलो शिनू धिटायेन

कांसवान माल्ली बूड
शिनू गेलो उदकांत
मुखार वताली सुंदरी
कांसव तिच्या फाटोफाट



अजापाचीच ती गजाल
लोक उदकांत बुडटा
शिनू तर हांगा
खोसयेन पाणयांत भोंवता

कांसव बाबडो पेंवतालो
आपल्या लुटूलुटू पांयांनी
शिनू मजेंत चोयतालो
आपल्या टुकूटुकू दोळयांनी

कितलें पळय नुस्तें
भोंवता हांगा थंय
केदे व्हडले शेवटे
तशी आकांताची कासय

मारपाचो हांव शेंवटाळयो
आसलें जर जाळ
पायक व्हरून दिवपाचों
गुंतून तांची माळ

नुस्तेंच कित्याक जाय
तळाक चोय हांगा
माणकां मोतयां सगळयाक
घालुंना कोणें वंय

माणकांचीं झाडांक फळां
भांगराचीं सगळयाक घरां
आंगलीं घालून मोतयांचीं
नाचती नुस्त्या पोरां

शिनूची घेवन वरात
सुंदरी पावली घरा
येवकार दिवंक चाकर
आसले तिश्टत दारा

अब्बा केदें घर!
हो तर वाडो
हांवें हांगा रावप!
हांव गरीब चेडो

सुंदरीन धल्लो हात
भितर ताका काडूंक
पावलां पोंदा ताच्या
लागलीं फुलां पडूंक

पंचारती घेवन हाती
आयल्यो मुखार सुंदरी
चारूय वांटां चाकरमाने
दवरून नुरा हांसरी

सामकोच शिनू भुल्लुसलो
पळोवन थंयचो थाट
पावलां घालूंक भियेतालो
मळत म्हूण वाट

दोयवंशी सुंदर नारी
घेवन हातीं फुलांराशी
पोल्या पोल्यार वसताली
अस्तमत्या सूर्या तांबशी

राजघरांत सरूंक भितर
हुमऱ्यार थेयलो पांय
येवकाराक आसलो उबो
नमळायेन नुस्त्या राय

दोळयांतुली उपकारी भास
शिनूक ताची भावताली
धुवेक आपले चोवन
नदर म्होंवाळ हांसताली

घडलेली घडणी रोखडी
ल्हारांनी म्हाका कळयली
उपकार तुजे म्हजेर
धुवेक तुवें वाचयली

ना म्हाका कोण
एकसुरी धूव म्हजी
सांग आतां कशी
सेवा करची तुजी

दर्याचो राजा हांव
धायदिको म्हजें नांव
भांगरान भरतां तुका
हांगाच आतां राव

खेळूंक कन्ये सांगाता
ना हांगा कोण
घडये तुजो सांगात
फुलयत तिजी जीण



सोंपले पुराय त्रास
आसली सगळी मजा
सुंदरी जाली राणी
शिनू दर्याचो राजा

खेळखेळ खेळपाचें
जाय तें खावपाचें
काम कसलें नाच
जाय तेन्ना न्हिदपाचें

नासलें थंय शिकप
सगळेच लोक हुशार
धंदो कोणे केलोंना
सगळो दीस बेकार

गरीब आनी गिरेस्त
ना कसलो वेगळोचार
पक्वानांनी भरून गेले
दिसाचे तिनूय पार

इतलो सोबीत गांव
म्हजो कित्याक ना!
सूख सगळयाक ओतलां
दुख्ख खंयच दिसना

चकचकीत दीस हांगा
वेळ कितलो जालो?
सूर्य केन्नाच उदेना
दीस कसो बुडटलो?

मोगांत दर्यासुंदरीचे
शिनू सामको घुस्पल्लो
काळ कितलो सल्लो
पुरायेन तो विसल्लो

ल्हारांवरीं रावले खेळत
नवलायेचे कांय खीण
सोंपली भरती खोसयेची
सुकूंक लागली जीण

चीत्त खंयच लागना
लागली घरा अथरेकणी
पायची याद येताली
खिणां पावला कणकणीं

कोणाक कांय कळना
शिनूक न्हीद पडना
खंती पळोवन शिनूक
सुंदरीक खाण रूचना

दिसा फाटल्यान दीस
कितलो काळ सल्लो
शिनू कांयच उलयना
आंगान सामको सुकलो

आतां बाबडे सुंदरीक
जायना जालें रावंक
शिनूचीं हीं मोनेपणां
लागलीं तिका खावंक

सांग म्हज्या राजा
कितें जालां तुका
खंती चोवन असो
कांय रूचना म्हाका

गुन्यांव भोगोस म्हाका
घडल्यार हातसून चूक
सांग सरळ मनान
जाल्यार उणें सूख

ना म्हजे राणये
नाका करूं दुख्ख
पायचे माये उबेची
लागल्या म्हाका भूक



वाट म्हजी चोयत
दोळयां दुकां काडटलो
ताचो मोग नासतना
खुशाल कसो आसतलों!

रोखडो हांव येन
मेळून म्हज्या पायक
जातलों हांव खोशी
इतलेंच म्हजें आयक

अशक्य ही गजाल
नाका मागूं कुंवरा
म्हाका परत मेळचोंना
वचत जर घरा

लागनां म्हजें मन
नाका म्हाका आडांव
वचून हांव देखतां
जाता तें जांव

एकदा हांगच्यान वचत
परत येवंक मेळचेंना
सुटिल्लें नुस्त्या पोर
हाताक परत ल।गचेंना

घेतलांच तुवें मनार
कसो तुका थारांव
गरज तुका पडटली
नाका तेन्ना होरांव

काळीज म्हजें रडटा
दितना तुका निरोप
रावतां हांव हांगा
करीत तुजो जप

कितें करचें उमगना
भावता तुजो मोग
लागला तरी मनाक
पायच्या भेटी रोग

येतां हांव प्रिये
म्हाका व्हरून पाय
सोडून वतना तुका
काळजाक जाता घाय

धर्तरी आतां बदल्ल्या
काळ आदलो उल्लोनां
सोपलीं खूप वर्सां
कोणच थंय मेळचोंना

थोडेच दीस जाले
कित्याक मोगा फटयता
घालून दोळ्यांत तेल
गांव म्हाका रावता



सांगलें तुका जायतें
वच तूं आतां
कासवाक सांगून हांव
देगेक व्हरून पायतां

दवर ही सांबाळून
ल्हानशी म्हजी भेट
गरज जेन्ना भासता
उक्ती कर थेट

ल्हानशी एक पेटी
दिली तिणें शिनूक
आपोवन हाडून सेवकाक
लायलो व्हरून पावंक

कासवाचे बसून फाटीर
धर्तरेर तो पावलो
कितले तरी दिसांनी
गांव आपलो चोयलो

दिसलें ताका अजाप
आदलें नासलें कांय
आसलीं तीं रूखां
खंय गेलीं काय!

पावलांची वाट वचून
जाल्लो नवो रस्तो
संवकळीचो गांव ताचो
दीस खुबूच मस्तो

खंय हांव पावलों
होच म्हजो गांव!
दिसनासलें कशें खंयच
ताचे खोपी नांव

खंय म्हजी खोंपटी
खंय म्हजो पाय
खोपी सुवातेर बंगलो
कसो आयलो काय!



पिशावरीं लागलो सोदूंक
शिनू आपलें घर
इशट ताचे नासले
सगळेच नवे पोर

भियेत कांचवेत ताणें
एकल्याक ल्हवूच पाचाल्लो
आयकून शिनूचो प्रस्न
व्हड व्हडान हांसलो

खंयचो तूं पिसो
आसली खंय खोंप!
बंगलो हो बांदून
सल्लो कितलो तेंप।

शिनू म्हजें नांव
दर्यांत हांव आसतालों
हांगाच एके खोपींत
पाय म्हजो रावतालो

दर्यांत तूं रावलो
तरीय जिवो उल्लो?
सांगू नाका तड्डकां
'मेण्टलांत' तूं आसलो

म्हजें मातशें आयक
खरेंच हांव सांगतां
दर्याच्या ह्या पोटांत
बायल म्हजी रावता

जाला हो पिसो
म्हणत सगळे कडसताले
बायल बुडल्या आसतली
सगळे ताका चुरचुरताले

आयली एका जाण्ट्याक
काकूळट ह्या पोराची
वचून म्हऱ्यांत ताच्या
घेतली खबर घराची

उतरां आयकून मायेचीं
आयलीं दुकां शिनूक
कोणूच तयार नासलो
गजाल ताची मानूक

म्हाताऱ्यान घेतली खबर
बारीक सारीक विचारून
सांगली शिनूक गजाल
याद मतींत हाडून

भुरगेपणी एक काणीं
सांगी म्हजो आजो
आसली हांगा खोंप
म्हणी खंय पणजो

सानुले ते खोपींत
आंतोन खारवी रावतालो
आळशी पुता सांगाताक
दीस खंय सारतालो



उपरांत एक दीस
दर्यार पूत गेलो
थंयच पाणयांत पडून
बुडून बाबडो मेलो

दुख्ख पुता मरणाचें
करीत म्हातारो मेलो
सल्लो खुपूच काळ
उगडास तितलो उल्लो

हांवच ताचो पूत
शिनू म्हजें नांव
दर्यांत आसा गांव
थंयच राव हांव.

कितलो तेंप गेलो
म्हाका कांयच गोमलेंना
आसा तसोच उल्लों
पिराय लेगीत वाडलीना.

सगळे लोक तरणे
कोणूच थंय मरनां
दीस काय रात
कांयच थंय कळना.

रावन थोडे दीस
आतां हांव आयलां
कशें तें नकळों
सगळेंच हांगा बदल्लां

सांगता कितें पुता
म्हाका कांयच समजना
काडले कितले पावसाळे
असलें केदीच देखलेंना

दर्यांत लोक रावता?
म्हाका सत दिसना
जल्म परत मेळटा?
म्हजो विस्वास ना

रावतालो जर दर्यांत
हांगा कित्याक आयलो?
वच पुता हांगच्यान
वोगीच पिसो थारतलो

लोक सामकेच वायट
तेंका कांय गोमचेंना
अजापाची गजाल ही
कोणाक चोवंक गावचींना



घेवन निरोप जाण्ट्याचो
आयलो शिनू दर्यार
सुंदरीक लागलो होरावंक
रावन आदल्या खडपार.

माल्ले खुबूच उले
नासली कोणां जाप
होरावन होरावन तिका
लागली शिनूक धाप.

सुंदरीन ताका सांगलेलें
नाका म्हणून वचूंक
एकदां हांगच्यान गेल्यार
मेळना केन्ना परतूंक

सुंदरीची येवन याद
जालें खूब दुख्ख
पायच्या मोगाक लागून
मोखलें हातचें सूख

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001557

जाली याद अखेरीक
सुंदरीन दिल्ले पेटयेची
तोच आसलो आदार
दिल्ले निमाणे भेटीची

सुंदरीचें नांव घेवन
काडली अचळय भायर
मनांत हाडून उमळशीक
काडलें धापणें वयर

उक्ते जाल्ले पेटयेंतल्यान
लागलो येवंक धुंवर
खिणां खिणां कणकणी
जाण्टो जालो कुंवर

गावलें ताचें जाण्टेपण
सोंपलो जसो धुंवर
पडलो सकयल कुंवर
पडलो मरून कुंवर.



885

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

1559
N-Dev
DTL

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

✣

c. No. ____________

Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

विद्यार्थी, युवक, कामगार आनी हेर शोशीत - पिडीत वर्गाच्या न्याय हक्कांखातीर सतत झुंजत आयिल्लो गोंयका आदर्श समाज निर्मणेखातीर सातत्यान स्तंभलेखन करपी. 'आघात', 'प्रहार' ह्या स्तंभांतल्यान फाटीफुडें पळ नासतना हल्लो करपी. 'बोरकारी', 'जिमलेट' सदरांतल्यान उपहासात्मक बरोवप करुन प्रस्थापितांचे बुरखे पिंजपी. गोंयचें घटक राज्य, कोंकणीक राज्यभाशेचो दर्जो आनी कोंकणीक घटनेच्या आठवे वळेरेंत सुवात ह्या स्वाभिमाना चळवळींत सदांच मुखार.

गोंय, गोंयकारपण आनी गोंयचो फुडार ह्या ध्यासान तन-मन-धनान वावुपरी एक ध्येयवादी.

आकाशवाणी, कलाअकादमी, तशेंच हेर साभार पुरस्कारां बांगडाच 'गोमांचल ते हिमाचल' ह्या प्रवास वर्णनां केंद्रीय साहीत्य अकादमीच्या पुरस्कारान सन्मानीत.